# मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं स्वच्छता ही सेवा मोहिमेचो शुभारंभ

ता. 17 सप्टेंबर 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सभाघरांत शार उदरगत संचालनालय आनी गोंय राज्य शार उदरगत एजन्सीन पंचायत संचालनालय, ग्रामीण उदरगत संचालनालय आनी पणजी म्हापालिकेच्या जोड पालवान आयोजीत कार्यक्रमात राज्य पांवड्यावयल्या स्वच्छताही सेवा मोहिमेचो शुभारंभ केलो.

"स्वभाव स्वच्छता-संस्कार स्वच्छता" अशी 2024 च्या स्वच्छताही सेवा मोहिमेची संकल्पना आसून ही मोहिम 17 सप्टेंबर ते 2 ऑक्टोबर मेरेन चलतली. गोंयात नितळसाण आनी पर्यावरण सांबाळ संस्कृतीक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या मोहिमेचो उद्देश आसा.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी नितळ पर्यावरण राखून आनी पोरण्यां आनी दुर्मीळ झाडांचे संवर्धन करून सैमाचो सांबाळ करपाची गरज उक्तायली. प्रत्येक गोंयकारान आपलो सरभोवतणचो वाठार कोयरा पासून मुक्त दवरचो, अशें आवाहन तांणी केले. तशेंच मोहिमेच्या काळात आयोजीत "नितळ आनी वेवस्थीत तालुको" सर्तीत सगळ्या तालुक्यांनी वाटो घेवपाची मागणी केली.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान राज्यांत कोयर वेवस्थापना खातीर कोयर प्रक्रिया प्रकल्प उबारपा वांगडाच हेर सगळें तरेचे उपाय करपात येता, अशें सांगलें. सरकारी कार्यालयांनी नितळसाण दवरपा खातीर खात्यांच्या मुखेल्यांक 5 लाख रूपया खर्चाची तजवीज करपाचीय सुचोवणी केल्या, अशेंय तांणी सांगलें

पंचायत मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हांणी कोयर वेवस्थापन कर एकटाय करपाचेर पंचायतींनी विशेश भर दिवपाची गरज व्यक्त करून स्वच्छ भारत मोहिमेखाला 100 पंचायतींक निधी दिल्ल्याचे सांगलें. नितळसाणी विशीं लोकांमदीं जागृताय करपा खातीर तरणाट्यांनी फुडाकार घेवपाचो उलो तांणी मारलो.

शार उदरगत सचीव डॉ. संजय गोयल, महापौर रोहित मोन्सेरात, ग्रामीण उदरगत संचालनालयाचे संचालक श्री. गोपाळ पार्सेकर, शार उदरगत संचालनालयाचे संचालक ब्रिजेश मणेरकर, पंचायत संचालक श्रीमती सिध्दी हळर्णकर आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

श्री. प्रदीप नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानलें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/492

--

---------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.